# मिनेझिस ब्रागांझा संस्थे वतीन हिंदी सृजनोत्सव कार्यावळीचें आयोजन

ता. 23 सप्टेंबर 2024

दर वर्सा हिंदी दिसानिमतान मिनेझिस ब्रागांझा संस्थे वतीन "हिंदी सृजनोत्सव" चे आयोजन करपात येता. ह्या वर्सा ही कार्यावळ 1 ऑक्टोबर 2024 दिसा सकाळी 9.30 वरांचेर पणजे मिनेझिस ब्रागांझा संस्थेत आयोजीत करतले. ह्या कार्यावळीचो एक भाग म्हूण संस्थेन गोंयच्या म्हाविद्यालयांतल्या विद्यार्थ्यां खातीर हिंदी भाशेंत भजन गायन, कविता सादरीकरण, निबंद लेखन, वक्तृत्व, स्कॅच तयार करप आनी चित्रकला सर्तीचें आयोजन केला. सर्तीच्या जैतिवंतांक ट्रॉफी आनी रोख इनामां भेटयतले. तशेंच ह्या कार्यक्रमात गोंय विद्यापिठात बीए आनी एमए च्या परिक्षेत हिंदी विशयांत गुणवत्ता मेळयिल्ल्या विद्यार्थ्यांचो सन्मान करतले.

भोपाळचे नामनेचे साहित्यिक श्री. गोविंद मिश्रा हांच्या हस्तुकीं हिंदी सृजनोत्सवाचे उक्तावण जातले. साहित्याच्या मळावयले नामनेचे व्यक्तिमत्व गोंयचे लेखक पद्मश्री विनायक खेडेकर आनी गोमंतक राष्ट्रभाशा विद्यापिठाच्यो अध्यक्ष श्रीमती कृष्णी के. वाळके आनी हेर मानेस्त कार्यावळीक उपस्थित आसतले.

अदीक म्हायती खातीर 9421868322 चेर संपर्क करचो.

म्हा /सप/ / विगां/ 2024/506

--

---------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.